**नाविकांक कळोवणी**

ता. 2 मार्च 2023

शिक्षा निकेतन स्कुल, तोर्डा बार्देस हांणी शाळेच्या भुरग्यांखातीर ता. 5 मार्च 2023 दिसा सकाळी 9.00 ते 10.00 वरां मजगती मांडवी न्हंयत रेईश मागूस फोर्ट ते फॉरेस्ट पार्क, कांपाल असो पेंवपाचो कार्यक्रम आयोजीत केला.

ते खातीर वयल्या उदका मार्ग क्षेत्रातल्यान येरादारी करपी सगळयों बार्जी, प्रवासी लाँची, क्रुईज बोटी, उदकाखेळ बोटी, पनेळ, फेरीबोटीं, नुस्तेमारी बोटीं, आनी हेर यांत्रिकीं आनी बिनयांत्रिकीं नाविकांनी मांडवी न्हंयत पेंवपी भुरग्यांक कसलीच आडखळ येवची न्हय म्हुण वयल्या काळांत बारीक नदर दवरून, सवकसायेन येरादारी करची आनी गरज पडली जाल्यार सुरक्षीत अंतराचेर थांबचे. तशेंच गस्तीचेर आशिल्ल्या बोटीवयल्यान तांबडो बावटो दाखोवन दिवपात येवपी सुचोवण्यांक पाळो दिवचो, अशें कॅप्टन ऑफ पोर्टस् खात्यान कळीत केला.

म्हा /सप/ ऑपे/ विगां/ 2023/209

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.